11 May 2026 6.30PM

PM On Somanth Temple (47)

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सोमनाथ अमृत पर्व उत्सवा वेळार गुजरातेतल्या सोमनाथ देवळांत प्रार्थना आनी म्हापुजा केली. जीर्णोद्धार जाल्ल्या देवळाची 75 वर्सां पुराय जाल्यात. खंयचोय देश आपल्या मुळां कडेन जोडिल्लो उरलो जाल्यारूच तो बरोच तेंप घटमूट उरूंक शकता अशें म्हणून ह्या वेळार उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें

PM on self-reliance- (107)

अस्तंत आशियांतल्या संकटाच्या काळांत देश घटमूट उरपा खातीर देशांतल्या लोकांनी वाटो घेवचो अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. आयात केल्ल्या इंधनाचे वापर उणो करचो अशें तांणी सांगलें., एक वर्स परदेश प्रवास टाळपा सयत डेस्टिनेशन वेडिंग वा भांगराची अतिरिक्त खरेदी करपाक एक वर्स मर्यादीत करप हाचेर तांणी भर दिलो. प्रधानमंत्र्यांनी 'वर्क फ्रॉम होम' ही कामाची पद्दत परतून सुरू करपाचोय उलो मारला.

नागरीकांनी खावपाच्या तेलाचो वापर, जाल्यार शेतकारांक परदेशांतल्यान आयात केल्ल्या फेर्टीलायझरांचो वापर उणें करचो असो उलो प्रधानमंत्र्यानी मारला. ‘व्होकल फॉर लोकल’ चळवळीक तेंको दितना तांणी भारताक 2047 मेरेन ‘विकसित भारत’ हें ध्येय साध्य करपा खातीर आत्मनिर्भरताय आनी सेंद्रीय शेतीची गरज आसा हाचेर भर दिलो.

Subhendu Adhikrani- ( 42)

अस्तंत बंगाल राज्य सरकारान बांगलादेश शिमेचेर कुंडो बांदपा खातीर सीमा सुरक्षा दळाक जमीन हस्तांतरीत करपाचो निर्णय घेतला. वेंचणुके उपरांत अस्तंत बंगालांत नवे सरकार तयार जालां आनी पयले मंत्रीमंडळ बसकेंत हो निर्णय घेतला. ह्या निर्णयाबद्दल उलयताना अस्तंत बांगलाचें मुखेलमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगलें...

(byte)

LPG Sujata Sharma - (58)

देशभरांत पेट्रोल आनी डिझेलाचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा, आनी घरगुती गरजे खातीर एलपीजीची पुरवण अखंडीत आसा अशें सरकारान सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं आयज नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलोवप करतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें की फाटल्या तीन दिसांनी 1 कोटी 26 लाख बुकींगांतल्यान 1 कोटी 14 लाख एलपीजी सिलिंडर घरांनी पावयल्यात.

Puducherry-Swearing ( 305)

पुडुचेरीचें मुखेलमंत्री म्हूण एनडीएचें फुडारी एन. रंगस्वामी सोपूत घेतलें. बिरेस्तारा लोक निवासांत जावपी कार्यावळींत लेफ्टनंट गव्हर्नर के कैलासनाथन तांकां सोपूत दितले. या सोपूतविधी सुवाळ्याक केंद्रीय मंत्री आनी भाजपाचे वेंचणूक प्रभारी डॉ.मनसुख मांडवीया, भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन, भाजपाचे पुडुचेरी प्रभारी निर्मल कुमार सुराना आनी भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष व्ही.पी. रामलिंगम हया सुवाळ्यांत वांटो घेतलें.

ICC rating - (31)

आयसीसीन जाहीर केल्ल्याप्रमाण दादल्यांच्या वनडे पंगडाच्या क्रमवारींत भारतान आपली पयली सुवात तिगोवन दवरल्या, जाल्यार दादल्यांच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय क्रमवारींनुय आपली पयली सुवात तिगोवन व्हायट बॉल क्रमवारींत भारताचो पंगड उत्कृष्ट कामगिरी करता.

Announcement ( 82)

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा  खबरा विभागा वरवी  'वृत्तनिवेदकाच्या' पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.  अर्ज  करपाक निमणी तारीख 17 मे  २०२६ आसा . हया पदाखातीर कोंकणी भाशेचें  गिन्यान आसचें. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी,  आल्तिन्हो, पणजी , गोवा  हांगा सादर करचो.

Weather- (77)

भारतीय हवामान खात्यान आयतारा मेरेन देशातल्या काय वाठारांनी एकसुरे गडगड, वीज आनी वादळी वारें येवपाचो अदमास काडला. तशेंच आयज आनी फाल्यां जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाखांत गारो पडपाची शक्यताय आसा. आसाम, मेघालय, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी हांगा आयज पावस, जाल्यार जम्मू- काश्मीर, लद्दाख, दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब हांगा गगड आनी वीज पडापाची शक्यताय आसा. इतलें माजगती गुजरात आनी राजस्थानांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेची ल्हारा येव शकता, जाल्यार कोंकण आनी गोंयांतल्या कांय सुवातींनी उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

Sports - (32)

आयपीएल टी-20 क्रिकेट खेळात आयज पंजाब किंग्स ह्या पंगडाचो खेळ दिल्ली केपिटल्स ह्या पंगडा आड जातलो. हो खेळ धरमशाला, क्रिकेट असोसिएशन स्टेडीअमांत हिमाचल प्रदेशांत जातलो. खेळ आयज सांजवेळार 7:30 वरांचेर सुरू जातलो.